# पोटवेंचणूक जावपी पंचायत वार्डांनी सोरो विक्री, लागी बाळगुपाचेर निर्बंध

ता. 6 मार्च 2025

दक्षीण गोंयच्या साश्ट म्हालातल्या सांव जुजे द आरियल पंचायतीचो वार्ड- 2 आनी सांगे म्हालातल्या नेतुर्ली पंचायतीचो वार्ड- 5 खातीर 9 मार्च 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून मतदान दीस आनी मतमेजणीच्या फांटभुंयेर पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतलीं सगळीं सोरो विक्री आस्थापनां, दुकांना, बार्रां ता. 8, 9 आनी 10 मार्च 2025 दिसा बंद दवरपाचो आदेश दिला. बार्र आनी रेस्टोरंट परवानो आशिल्ल्या आस्थापनांक फकत खावपाचे जिन्नस विकपाक मेळटले आनी तशीं सुचोवणी दिवपी बोर्ड लावचे पडटले. बार्र काऊंटर बंद दवरचो पडटलो आनी वयल्या दिसांनी सोरो विकपाक मेळचो ना.

तशेंच वयल्या दिसांनी पोटवेंचणूक जावपाची आशिल्ल्या वार्डांनी खंयचीय व्यक्ती आपल्या कुटुंबातल्या वांगड्या सयत बियर सोडून भारतीय बनावटीच्या विदेशी सोऱ्याची वा विदेशी सोऱ्याची पाऊण बाटली आनी 650 एमएलच्यो स बियरीच्यो बाटल्यो आनी देशी सोऱ्याची पाऊण बाटली एका जाग्यावयल्यान दुसऱ्या जाग्यार व्हरपाक शकतली वा आपल्या लागी बाळगुपाक शकतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/209

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.